**<u>तरणाट्यांक लोकशाय प्रक्रियेत सहभागी करून घेवपाची गरज आसा- श्री. आर्लेकर</u>**

ता. 14
डिसेंबर 2021

हिमाचल प्रदेशाचे राज्यपाल श्री. राजेंद्र आर्लेकर हांणी तरणाट्यांक लोकशाय प्रक्रियेत सहभागी करून घेवपाचो उलो मारलो. पिरायेची 18 वर्सां पुराय जाल्ल्या तरणाट्यांनी फुडें येवन आपले नाव मतदार वळेरींत नोंद करपाक जाय आनी वेंचणूकांनी मतदान करपाक जाय. तशेंच आमी आपले पयले कर्तव्य म्हूण कसलोच भेदभाव करीनासतना लोकशाय मजबूत करपाक वावर करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

श्री. आर्लेकर आयज मडगांवच्या रवींद्र भवनात गोंय मुक्तीच्या 60 व्या वर्सानिमतान आयोजीत गोवा उत्सव व्याख्यान कार्यक्रमात उलयताले.

राज्यपालान लोकांक गोंयचो इतिहास आनी खास करून मुक्ती चळवळीचो इतिहास जाणून घेवपाचो उलो मारलो. तरणाटें हे समाजाचो आनी देशाचो फुडार जावन आसा आनी त्या खातीर तांणी देशाच्या विकासाक योगदान दिवपाक वावर करपाक जाय. स्वातंत्र्य सैनिक आनी फुडाऱ्यांच्या त्यागाक आनी योगदानाक लागून आमकां परकीय सत्तेतल्यान स्वातंत्र्य मेळ्ळे. देशाची संस्कृती आनी वारसो आमकां अभिमान जावन आसा. आमी आमच्या संस्कृतीचो आनी वारशाचो सांबाळ करपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष श्री दामोदर नाईक हांणीय ह्या वेळार आपले विचार मांडले. म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. म्हायती सहाय्यक सिध्देश सामंत हांणी कार्यक्रमाचें सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1042

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji